# पर्यटन पर्व कार्यक्रमाचे उक्तावण

ता. 24 ऑक्टोबर 2017
2 कार्तिक 1939

पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी आयज पर्यटन भवन पाटो-पणजी हांगा केंद्रीय पर्यटन मंत्रालयान गोंय सरकारचे पर्यटन संचालनालय आनी भारत सरकारच्या विभागीय पर्यटन विभागावतीन आयोजित तीन सप्तकाच्या पर्यटन पर्व कार्यक्रमाचे उक्तावण केले.

गोंय पर्यटन विकास महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. निलेश काब्राल, पर्यटन खात्याचे उपसंचालक श्री. ब्रिजेश मणेरकर केंद्रीय पर्यटन विभागाचे पालवी संचालक श्री. कुटन, हॉटेल मॅनेजमेंट संस्थेची प्राचार्य श्रीमती डोना डिसौझा आनी हेर मानेस्त ह्यावेळी हजर आशिल्ले.

सांस्कृतीक विविधताय आनी हेर माध्यमातल्यान पर्यटनाक उर्बा दिवप हो ह्या कार्यक्रमाचो उद्देश आसून पर्यटन स्थळाची रोषणाय, सांस्कृतीक कार्यक्रमाचे आयोजन, पर्यटन सेवा आनी योगा प्रात्यक्षिका, पर्यटन मळार कुशळताय विकास आनी हेर साबार कार्यक्रमाचेर आयोजन 5 ऑक्टोबर ते 25 ऑक्टोबर मेरेन करतले.

गोंय हे देशी तशेंच विदेशी पर्यटकांचे आकर्षण आसून प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी सुरूवात केल्ल्या पर्यटन पर्व कार्यक्रमातल्यान गोंयच्या पर्यटनाक आनीक उर्बा मेळटली अशें पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगावकर हांणी हे वेळार उलयताना सांगले.

श्री. निलेश काब्राल हांचेय ह्यावेळार उलवप जाले.

पर्यटन खात्याचे उपसंचालक श्री. अरविंद खुटकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो आनी निमणे श्री. दिपक नार्वेकर हांणी उपकार मानले.